## Akashwani panaji regional news 30th august 2026 7.25 am

RASHMI

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी Purecycle by Blackgold ह्या वेर्णा हांगा सुरु केल्लया ई-वेस्ट रिसायकलिंग सुविधेचें उद्‌घाटन शेनवारा केलें. ह्या वेळार नुवेंचे आमदार आलेक्सो सिक्वेरा तशेंच Purecycle कंपनीचें व्यवस्थापन आनी अधिकारी हाजीर आशिल्ले.ही सुविधा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या "Waste to Wealth" ह्या संकल्पनेच्या दिशेन एक म्हत्वाचें पावल आसा. purecycle byte

---------------------------------------------------

**CM On Sports Day**

शिक्षणातल्यान करीयर घडोवप हे महत्वाचे आसाच, मात खेळामळार स्वतचें करीयर घडोवप हे लेगीत महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते कांपला indoor stadium र आयोजित राश्ट्रीय खेळ दिसाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. राश्ट्रीय पावड्यांर जावपी वेगेवगळ्या खेळा सर्तीत खेळपाक इत्सुक आशिल्लया गोंयच्या खेळगड्यांक राज्य सराकार खेळामळार लागपी साधन सुविदा, प्रशिक्षण, अर्थिक आनी हेर बाबतीन सदाच मदत करतले अशे आश्वासन मुखेलमंत्र्यांनी दिले.(CM - On National Sports Day) byte

---------------------------------------------------

मन की बात'

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवानिचेर 'मन की बात' कार्यावळी वरवीं भारत आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो १३७ भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्कांत, एआर न्यूज संकेतथळ आनी 'न्यूसओनएअर' मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच एआर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री

कार्यालय (पीएमओ) आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. ही कार्यावळ हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी प्रसारीत जातली.

---

**COLOURS AWARD TO GOA POLICE**

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह 7 सप्टेंबराक डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमांत गोंय पुलिसांक President's Colours Award दिवपाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण हाजीर रावतले .ताळगांवा श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेर ही कार्यावळ सांजेच्या चार वराचेर जातली. देशातल्या 15 राज्यातल्या पुलिशेक हो पुरस्कार फावो जालो, जाल्यार गोंय ह्या राज्यांमदी पाचव्या नंबराचेंर आसा अशें सांगतांना मुखेलमंत्र्यांनी म्हटलें.. (CM- ON COLOURS AWARD TO GOA POLICE) Byte

---

**Ride of pride**

President's Colours Award हो भारतांतल्या लश्करी युनिटाक वा राज्य पुलीस दळाक सुरक्षिततायेच्या सेवेखातीर दिवपी सगळ्यांत व्हडलो भोवमान जांवन आसा. President's Colours Award ह्या कार्यावळीत हजेरी लावपाक इत्सुक आशिल्लया गोंयकारांक तांच्या थळाव्या पुलिस स्टेशनांनी आमंत्रणाचे पास 4 संप्टेबरासांवन घेवपाक मेळटले. गोंय पुलिशेच्या ride of pride ह्या रॅलीक बावटो दाखयल्या उपरांत उलयताना मुखेलमंत्र्यांनी म्हणले....(CM - On Ride of Pride Rally-) Byte

---

RASHMI

काणकोण -पर्तगाळ हांगाच्या आदर्श धाम स्थित २४ मीटर उंचायेच्या कांश्याच्या शिल्पाक आशिया बुक ऑफ रेकॉर्ड्स आनी इंडिया बुक ऑफ रेकॉर्ड्स हाणी भगवान रामाचें सगळ्यांत उंच स्थापन केल्लें कांस्य शिल्प म्हणून मान्यताय मेळ्ळया.

---------------------------------------------------

**Weather**

गोंय वेधशाळेच्या अदमासाप्रमाण पणजेत चढत चड तापमान ३२ अंश celcius आणि उण्यात उणे तापमान २६ अंश celcius तापमानाची नोंद जाल्या

---------------------------------------------------

**Sports**

एथलेटिक्स सर्तींत गोंयचें प्रतिनिधित्व चार खेळगडे करतले. ही सर्त 1 ते 3 सप्टेंबर मेरेन लुधियानाच्या गुरुनानक स्टेडियमांत जातली.

---------------------------------------------------